# वीज मंत्र्यांच्या हस्तुकीं शिवणकाम यंत्रांचे वाटप

ता. 11 नोव्हेंबर 2025

कुशळटाय विकास आनी उद्देजकताय संचालनालयाच्या मुख्यमंत्री कुशळटाय विकास येवजणे खाला शिवणकाम प्रशिक्षण यशस्वीरित्या पुर्ण केल्ल्या फोंडा तालुक्यातल्या वाडी तळावली ग्रामपंचायत वाठारांतल्या 33 बायलांक वीज मंत्री श्री सुदिन ढवळीकर हांणी माधवराव ढवळीकर चॅरिटेबल ट्रस्टा वतीन शिवणकाम यंत्रांचें वाटप केले.

वाडी तळावली हांगाच्या हनुमान मंदिराच्या सभामंडपाच्या बांदकामा खातीर बुन्यादी फातर बसोवपाच्या कार्यक्रमात बायलांक आपरोजगारातल्यान सक्षम करपाच्या उद्देशान माधवराव ढवळीकर चॅरिटेबल ट्रस्टा वतीन शिवणकाम यंत्रांचें वाटप केले. माधवराव ढवळीकर चॅरिटेबल ट्रस्टाचे विश्वस्त मिथिल ढवळीकर हांणी ट्रस्टाच्या उपक्रमाचो उद्देश सांगलो.

स्वयंपूर्ण मित्रा श्री साईराज फडते हांणी स्वयंपूर्ण गोंय उपक्रमाची म्हायती दिली. कार्यक्रमाक वाडी तळावली ग्रामपंचायतीचे सरपंच, उपसरपंच, पंच वांगडी आनी नागरीक उपस्थित आशिल्लें.

स्वयंपूर्ण गोंय उपक्रमाक आदार करपाच्या दिश्टीन कुशळटाय विकास आनी उद्देजकताय संचालनालयाक 10 शिंवपाचीं मशीनां दिल्ले खातीर फोंडा रोटरी क्लबाचे वांगडी श्री लुईस गोम्स, श्री आशुतोष खांडेकर, श्री प्रवीण नाईक हांचो ह्या वेळार सत्कार केलो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/869

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.